# विद्यार्थ्यांच्या सुरक्षेखातीर पोक्सो कायद्यावयल्या परिपत्रकात दुरूस्ती

29 नोव्हेंबर 2023

गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगान बाल संरक्षण यंत्रणाकडेन सल्लामसलत करून शाळांनी विद्यार्थ्यांची सुरक्षा आनी पोक्सो कायद्यातल्या तरतुदींच्या अंमलबजावणी संदर्भात जारी केल्ल्या परिपत्रकात सुदारणा केल्यात. भुरग्यांच्या सुरक्षेखातीर शिक्षण संचालनालयान लिंगीक शोशणाची कागाळ आयल्या बरोबर शाळा अधिकाऱ्यांक कागाळीचो तपास आनी कारवाय करपा बाबतीत ताकतिकेन आदेश दिवपाची गरज आसा.

शाळांतले शिक्षक आनी शिक्षकेतर कर्मचारी, वेवस्थापन, कंत्राटी कर्मचारी, स्वयंसेवक आनी शाळेच्या वेव्हाराकडेन संबंदीत आशिल्ल्याक पोक्सो कायद्यातल्या कलम 19 आनी कलम 21 तशेंच कामाच्या थळार लिंगीक आगळीक कायद्याची म्हायती आसप गरजेची.

खंयच्याय भुरग्यान लिंगीक आगळीकेच्या घडणूकेची कागाळ केल्यार पीडित भुरग्याक मानसिक, भावनिक आधार दिवपा खातीर समुपदेशकाची मदत घेवपाची गरज आसा. गोंय शिक्षण विकास म्हामंडळा खाला समुपदेशकांची नेमणूक केल्ली आसून बाल लिंगीक शोशणाच्या कसल्याय घडणूकेची कागाळ करपी भुरग्याक सहकार्य आनी मदत करप तांचे काम आसा. तशेंच बाल लिंगीक शोशणाच्या घडणूकेची कागाळ थेट समुपदेशकाकडेन केली जाल्यार समुपदेशकान संस्थेच्या मुख्याध्यापकाक कळोवन त्या घडणूकेची लेखी कागाळ पुलीस स्टेशनार करप समुपदेशकाचे कर्तव्य आसा.

शाळेत समुपदेशक नासल्यार भुरग्यान कथन केल्ली घडणूक शिक्षकान शाळेच्या मुख्याध्यापक/प्रभारीक लेखी स्वरूपात दिवप आनी उपरांत ती 12 वरांभितर चवकशी खातीर पुलीसाकडेन धाडपाक जाय.

कामाच्या थळार बायलांची लिंगीक सतावणूक कायद्याखाला स्थापन केल्ल्या “अंतर्गत कागाळ समिती” वा “विशाका समिती” वा शाळा वेवस्थापन समितीक बाल लिंगीक अत्याचाराची प्रकरणां/कागाळ हाताळपाक अधिकार आसचो ना.

तशेंच शाळेच्या मुख्याद्यापकान बाल लिंगीक शोशणाच्या घडणूकेच्या कागाळी संदर्भात ताकतिकेन घेतिल्ल्या उपाय/निर्णयांची म्हायती शिक्षण खात्याक दिवप हे ताचें कर्तव्य आसा.

जिल्हा बाल संरक्षण विभाग तशेंच गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगाकय घडणूकेची म्हायती दिवपाक जाय, जेणे करून भुरग्याक चड मानसिक आनी कायदेशीर मदत मेळपाक शकतली.

बाल लिंगीक शोशणाच्यो घडणूको टाळपाखातीर शाळांनी म्हत्वाच्या जाग्यांचेर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवप शिटकावणी दिवपी चिन्हां लावपा सारखे उपाय करपाची गरज आसा. तशेंच सुरक्षीत जाग्यार कागाळ बॉक्स दवरप आवश्यक आसा. बाल लिंगीक शोशणाच्यो घडणूको टाळपाखातीर शाळांनी केल्ल्या उपायांची म्हायती शिक्षण संचालनालयाक दिवपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/915

--

---

Issued by the

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.